**एड्स नियंत्रण संघटने वतीन नॅशनल रेड रनचे आयोजन**

ता. 3 ऑक्टोबर 2024

भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालया खालच्या राष्ट्रीय एड्स नियंत्रण संघटने वतीन 10 नोव्हेंबर 2024 दिसा मिरामार सर्कला कडल्यान नॅशनल रेड रन मॅराथनचे आयोजन करपात येतले.

गोंय राज्य एड्स नियंत्रण संस्थेचे प्रकल्प संचालक डॉ. ललिथा उम्रस्कर हांच्या यजमानके खाला हालीच भलायकी सेवा संचालनालयाच्या कार्यालयांत जाल्ल्या बसकेत नॅशनल रेड रन मॅराथन आयोजनाच्या तयारीचो नियाळ घेतलो. राष्ट्रीय एड्स नियंत्रण संघटनेचे एमएस श्री. वेदीत बेंजामिन फ्रँकलीन, युथ विभागाचे उपसंचालक श्रीमती पारूल सिंग आनी हेर अधिकारी बसकेक हाजीर आशिल्लें.

रेड रन 10 किलो मिटर अंतराची आसतली आनी विविध राज्यां आनी संघप्रदेशांतल्यान तीन जैतवंतांची निवड करपात येतली. एड्स दुयेंता विशीं युवकांमदी जागृताय करप हो ह्या नॅशनल रेड रन मॅराथनचो उद्देश आसा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/543

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.